प्रादेशिक खबरो 20.09.2025 @ ७.20 pm

**नमस्कार आकाशवाणी पणजी प्रादेशिक खबरा विभागा वरवीdk तुमका प्रादेशिक खबरो दिता . ह्यो आसात काय मुखेल खबरो**

- भौशीक दर्यादेग नितळसाण दिस 2025 चो भाग म्हणून केळशी दर्यादेगेर मेगा बीच नितळसान मोहीम घडोवन हाडली.
- खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान 2023-24 आनी 2024-25 वर्सां खातीर राज्य युवा पुरस्कार खातीर अर्ज मागयल्यात
- कर रचना सुलभ करपाक आणि नागरिका/वेलो आर्थिक भार कमी करपाक एक इतिहासिक पाऊल म्हूण, next gen जीएसटी सुधारणा वरवी नवीन कर दर सोमवार सावन लागू करतले
- स्वस्थ नारी सशक्त परिवार अभियाना खाला आयज जायत्या सुवातिनी भलायकी शिबिरा आयोजित केल्ली

भौशीक दर्यादेग नितळसाण दिस 2025 चो भाग म्हणून केळशी दर्यादेगेर मेगा बीच नितळसान मोहीम घडोवन हाडली. केळशी ग्राम पंचायत, पर्यावरण मंत्रालय आनी केळशी जैव विविधताय फावंडेशन हांणी जोड पालवान ही कार्यावळ घडोवन हाडली. ह्या काऱ्यक्रमांत कॉलेजीचे शिक्षक, विद्यार्थी आनी थळाव्या समाजाच्या वांगड्यांनी वांटो घेतलो. सगले एकठांय येवन दर्यादेग निवळ दवरपाक आनी पर्यावरण संवर्धन विशीं जागृताय निर्माण करपाक वावुरलें. २० सप्टेंबर हो दिस दर्यादेग नितळसाण दिस म्हूण पाळतात. त्याच निमतान आयज ही नितळसाण कार्यावळ जाली. ह्या कार्यावळीक थळावे सरपंच डिक्सन वाझ, काय म्हाविद्यालयातले शिक्षक आनी विद्यार्थी तसेच थळाव्या नुस्तेकार भावांनी वांटो घेतलो. ह्या काऱ्यक्रमांत पेले ह्या नांवान लोकप्रिय आशिल्ल्या फ्रांसिस्को फर्नांडीस हांचो पर्यावरण संरक्षण आनी समाजीक कामां खातीर केल्ल्या सतत यत्नांक आनी समर्पणाक लागून भोवमान केलो. हे वेळार पेले हाणी आपले मनोगत उक्तायले

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान 2023-24 आनी 2024-25 वर्सां खातीर राज्य युवा पुरस्कार खातीर युवा विकासाच्या क्षेत्रांत काम करपी सक्रिय आनी गतिशील व्यक्ती आनी स्वयंसेवी संघटना, म्हाविद्यालय, युवा क्लब आनी निम सरकारी संघटनां कडल्यान अर्ज मागयल्यात.वैयक्तिक पुरस्काराखातीर १५ ते २९ वयोगटातले युवक अर्ज करपाक पात्र आसात . अर्ज नमुना, पात्रतेचे नियम वा अटी आणि हेर माहिती खेळ आणि युवा व्यवहार संचालनालय www.dsya.goa.gov.in या वेबसाइटीर उपलब्ध आसा. पात्र युवक, स्वयंसेवी संस्था आणि हेरांनी पुराय भरीलले अर्ज, आपणे केलले सेवेचे प्रमाणपत्र आणि दाखल्यासयत १७ ऑक्टोबर २०२५ मेरेन खेळा आणि युवा व्यवहार संचालनालय, कामपाल पणजी हांगा सुपूर्द करचे .

कर रचना सुलभ करपाक आणि नागरिका/वेलो आर्थिक भार कमी करपाक एक इतिहासिक पाऊल म्हूण, next gen जीएसटी सुधारणा वरवी नवीन कर दर सोमवार सावन लागू करतले.इलेक्ट्रिक ACCUMULATERSवेलो कर दर २८ टक्क्यां वेलान १८ टक्के केला, ज्याकालागुन डिजिटल उपकरणां आणि लहान उपकरणां खातीर बॅकअप पॉवरची उपलब्धता वाढल्या

जेश्ठ साहित्यिक आनी साहित्य अकादमी पुरस्कार सन्मानीत लेखक प्राचार्य. अरुण साखरदांडे हांच्या "थळांतर" कविता झेल्याचें लोकार्पण 22 सप्टेंबर 2025 दिसा सांजेंच्या 5 वरांक इन्स्टिट्यूट मिनेझीस ब्रागांझा सभाघरात जातले. प्राचार्य अरुण साखरदांडे हे गोवा कोंकणी अकादेमीचे आदले अध्यक्ष आनी नारायण झांटये म्हाविद्यालयाचे आदले प्राचार्य. तांचीं एका झाडाक घर जाय, कावळ्याचें श्राध्द, मोग किनारी आनी पलतडच्यो सावल्यो हीं पुस्तकां आसात. हे कार्यावळीक अध्यक्ष म्हण सरस्वती सन्मानाचे मानकरी जेश्ठ साहित्यकार महाबळेवर सैल आसतले. कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हण गोवा कोंकणी अकादेमीचे अध्यक्ष डॉ. पुर्णानंद च्यारी तर मानाची सोयरी म्हण कवी आनी लेखक राधा भावे आसतलीं.

ह्यो खबरोतुमी आकाशवाणी पणजी केंद्रावेल्यान आयक्तात

आता मुखावेल्यो खबरो

सुभाष हरित शाळा 90

केंद्र सरकारान सुरू केल्ली 'नितळ आनी हरीत शाळा' नामांकन मोहीम फकत शाळांक विशिश्ट दर्जो दिवपा/पुरती मर्यादीत नासून ही वेवस्था शाळांच्या नितळसाणी विशी म्हायती एकठाय करपा खातीर आसा अशे राज्य शिक्षण संचालनालयान सांगला. पिवपाचे उदक, शौचालय, हात धुवपाची वेवस्था आनी पद्दत आनी हेर वेवस्थेक दर्जो दिवपाखातीर आसा अशें ह्या विशीच्या परीपत्रकांत म्हळा. केंद्र सरकाराच्या शिक्षण मंत्रालयान २५ जुलय २०२५ दिसा २०२५/२६ शिक्षणीक वर्सा खातीर निवळ आनी पाचवी शाळा रेटिंग – SHVR मोहीम सुरू केल्ली. राज्यांतल्या सगळ्या शाळांनी ३० सप्टेंबर २०२५ मेरेन निवळ वा पाचवी शाळा रेटिंगा खातीर स्वताक नामांकीत करचें अशें आवाहन राज्य शिक्षण संचालनालयान केलां.

स्वस्थ नारी सशक्त परिवार अभियाना अंतर्गत आयोजित शिबिराविशी आयकुया खबरा विभागाचो खासा रिपोर्ट

**Byte NEW SNSP**

आकाशवाणी पणजी केंद्र हंगामी खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता.पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे समपर्क साध्चो. अर्ज धाडपाची निमणी तारीख २० ऑक्टोबर आसा

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 30.4 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान तापमान 24 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला

गोयची उदेति बेडमिनटनपटू डिम्पल रेवणकर हाणे पंचकुलात सुरु अशील्ल्या अखिल भारतीय सब जुनियर मानाकन बेडमीनटन सर्तीत 15 वर्सा सकयल्या चलीयांच्या एकोडी सरतीत मुखेल फेरी गाठली

आनी आता खबरो सोपोवचेपयली परत एक फावत काय मुखेल खबरो

- भौशीक दर्यादेग नितळसाण दिस 2025 चो  भाग म्हणून केळशी दर्यादेगेर मेगा बीच नितळसान मोहीम घडोवन हाडली.
- खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान 2023-24 आनी 2024-25 वर्सां खातीर राज्य युवा पुरस्कार खातीर अर्ज मागयल्यात
- स्वस्थ  नारी सशक्त परिवार अभियाना खाला आयज जायत्यासुवातिनी भलायकी शिबिरा आयोजित केल्ल्ली